**7th Sept 2025** **सकाळी - 8.40**

**आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या**

**प्रादेशिक खबरा**

**मुखेल खबरो**

- **प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे कडेन, युक्रेनांतले संघर्श बेगीन सोंपवपाचे यत्न करपाविशी चर्चा केली.**
- **नव्यान लागू केल्ल्या जीएसटी दर आनी स्लॅबाचो, शेतकी क्षेत्राचेर व्हड परिणाम जातलो, अशें केंद्रीय कृशी आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां.**
- **आशिया कप दादल्यांच्या हॉकी सर्तीच्या फायनलींत आयज भारत, दक्षिण कोरिया आड खेळटलो.**
- **अमेरिका उक्त्या टेनिस सर्तींत, अमांडा अनि-सिमोवाक हरोवन, आरीना साबालेंका हिणें, आपलो खिताब यशस्वीपणान राखलो.**
- **राजस्थान आनी गुजरातात, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन भारतीय हवामान खात्यान आयज रेड अलर्ट जारी केला.**

-------------------------------------------

पीएम मॅक्रॉन

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे कडेन, युक्रेनांतले संघर्श बेगीन सोंपवपाचे यत्न करपासयत, आंतरराष्ट्रीय आनी प्रादेशिक प्रस्नांचेर विचारांचो दिवप-घेवप केले. संघर्श शांततायेन सोडोवपाक आनी बेगीन शांतताय आनी स्थिरताय परतून हाडपाक, भारतान सातत्यान आदार दिल्ल्याचें, मोदी हांणी परतून सांगलें. काल फोनाचेर जाल्ल्या संवादांत, दोनूय फुडाऱ्यांनी वेगवेगळ्या मळार द्विपक्षीय सहकार्याच्या प्रगतीचो नियाळ घेवन मोलावणी केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि भारत-फ्रांस रणनिती भागीदारी, संवसारीक शांतताय आनी स्थिरताय वाडोवपाक

मुखेल भुमिका करतली. फुडल्या वर्सा फेब्रुवारींत, भारतान आयोजीत केल्ल्या AI Impact समिटाचें आमंत्रण मान्य केल्ल्या खातीर, प्रधानमंत्र्यांनी, मॅक्रॉन हांचे उपकार मानले.

-------------------------------------------

शिवराज सिंग चौहान  जीएसटी

नव्यान लागू केल्ल्या जीएसटी दर आनी स्लॅबाचो, शेतकी क्षेत्राचेर व्हड परिणाम जातलो, अशें केंद्रीय कृशी आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. भोपाळांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना मंत्री चौहान हांणी, ह्या बदलांचो खास करून ल्हान आनी मध्यम शेतकारांक फायदो जातलो, अशें स्पश्ट केलें. शेतकी उपकरणांचेर जीएसटीचे दर उणे केल्यार, शेतीचो खर्च उणो जातलो, जाका लागून शेतकारांचो फायदो वाडटलो, अशेंय तांणी सांगलें.

-------------------------------------------

PM Guyana

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गुयाना हांगा जाल्ले, सार्वत्रिक आनी प्रादेशिक वेंचणुकेंत राष्ट्राध्यक्ष इरफान अली हांकां व्हड जैत मेळिल्ल्यान, तांका परबीं दिल्यांत. इतिहासीक आनी लोकांमदल्या संबंदांचेर आदारिल्ली भारत-गुयाना भागीदारी, आनीक घटमूट करपाची आस्त बाळगीता, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें. प्रधानमंत्र्यांच्या  संदेशाक जाप दितना, गुयानाचे  राष्ट्राध्यक्ष अली हांणी, दोनूय देशांमदले आदींच घटमूट आशिल्ले संबंद आनीक घटमूट करपा खातीर प्रधानमंत्री मोदी, भारत सरकार आनी भारतांतल्या लोकांवांगडा लागींच्यान वावुरपाची इत्सा उक्तायली.

-------------------------------------------

Jaishankar Trump

अमेरिकेच्या राष्ट्राध्यक्षांच्या हालीच्या विधानांक जाप दितना, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांनी सोशल मीडिया पोस्टत म्हणला, की भारत आणि अमेरिकेमदी खूप सकारात्मक आणि भविष्यसूचक, व्यापक आणि जागतिक धोरणात्मक भागीदारी आसा. काल राती वॉशिंग्टनात, माध्यमांक दिल्या प्रतिक्रियेत, ट्रम्प हाणी म्हणले, की भारत आणि अमेरिकेचे एक विशेष संबंध आसा आणि दोनुय देशांमधल्या संबंधांबद्दल हुस्को करपाची कायच गरज ना. भारत-अमेरिका संबंधांबद्दल राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांच्या प्रतिक्रियेक, प्रधानमंत्री मोदी हांणी जाप दिल्या उपरांत, रोखडेच परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी म्हळें की, ते राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांच्यो भावना आणि दोनूय देशांच्या सकारात्मक मूल्यांकनाची मनापासून तोखणाय करतात.

-------------------------------------------

अमर प्रीत सिंग

ऑपरेशन सिंदूरांतल्यान भारताची बेगीन, निर्णायक आनी नेटान हल्लो करपाची तांक दाखयली, अशें हवाई कर्मचारी मुखेली मार्शल अमर प्रीत सिंग हांणी सांगलां. चेन्नयांतल्या ऑफिसर्स ट्रेनिंग ॲकॅडमीत पासिंग आउट परेडिक संबोधीत करतना, तांणी नव्यान नेमील्ल्या अधिकाऱ्यांक, राष्ट्रसेवेंत संयुक्तपणाची भावना तिगोवन दवरची, अशें सांगलें. हे परेडीत 130 दादले आनी 25 बायला अधिकारी कॅडेट, भारतीय सैन्यांत भरती जाल्यात. णव इश्टागत राश्ट्रांतल्यान णव दादले आनी 12 बायलां सयत, 21 विदेशी कॅडेटांनी आपलें प्रशिक्षण पुराय केलें. ऑपरेशन सिंदूरांतल्यान मेळिल्ल्या धड्यांतल्यान लश्कर, नौदल, वायुसेना आनी हेर राष्ट्रीय सुरक्षा एजन्सी हांचे मदलो यशस्वी समन्वय सिद्ध जालो, अशें हवाई मुखेली मार्शल सिंग हाणी नदरेक हाडलें.

-------------------------------------------

Vaishnav

माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी म्हळा की, प्रधानमंत्र्यांनी फुडल्या पिळगेखातीरच्या जीएसटी सुधारणांसयत, मध्यमवर्गीय कुटुंबांक महत्त्वपूर्ण थाकाय आणि मोलादीक भेट दिल्या. आज नवी दिल्लीत माध्यमांक माहिती दितना मंत्री  वैष्णव हांणी म्हणले की, जीएसटी सुधारणांक लागुन, देशाच्या जीडीपीत सुमार २० लाख कोटी रुपया वाढ जावपाची आस्त  आसा. जाकालागुन देशाच्या अर्थव्यवस्थेक मोठी चालना मेळटली. २०१४ वर्सा आदी, सामान्य मनीस गुंतागुंतीच्या करांच्या जाळ्यात अडकल्लो. जाका लागुन मध्यमवर्गीय कुटुंबांर वजें पडताले. जीएसटी सुधारणांवरवी ही व्यवस्था, आता सोपी आणि स्थिर केल्या, अशेंय मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगले.

-------------------------------------------

Lunar Eclipse

आयज पुराय चंद्रगिराण. हें गिराण  भारतभर स्पश्टपणान दिसतलें. दिल्ली, मुंबय, कोलकाता आनी बेंगळुरू तशेंच आशिया, ऑस्ट्रेलिया, उदेंत आफ्रिका आनी युरोपांतल्या कांय वाठारांनी ते  पुरायपणान दिसतले. आज रातीं 8:58 वरांचेर चंद्रगिराण सुरू जावन फाल्यां सकाळीं 2:25 वरांचेर सोंपता. एक दुर्मिळ खगोलीय घडणूक हे  एक दशकांतले  सगळ्यांत लांब गिराण आसतले. ताचो काळ 82 मिनटांचो आसतलो आनी द्रगिराण पांच वरां परस चड काळ चलतलो. जेन्ना पृथ्वी  सूर्य आनी चंद्र हांचेमदीं येता तेन्ना चंद्रगिराण जाता. ह्या वेळार पृथ्वीची सावळी चंद्राचेर पडटा. ही घडणूक फकत पुनवेच्या  दिसा घडटा. हाचेखाला धर्तरी, सूर्य आनी चंद्र हे सगळे सरळ रेशेंत आसतात.

-------------------------------------------

Hockey

आशिया कप दादल्यांच्या हॉकी सर्तीच्या फायनलींत आयज भारत  दक्षिण कोरिया आड खेळतलो. ही मॅच सांजवेळा 7:30 वरांचेर बिहारांतल्या राजगीर

शारांत जातली. काल निमाणे सुपर फोर मॅचींत चीनाचो 7-0 असो पराभव करून भारतीय पंगड फायनलींत पावलो. ह्या अदभूत जैताक लागून भारत सुपर फोरांत पयल्या क्रमांकाचेर उरलो. दक्षिण कोरिया मलेशियाचेर 4-3 अशी मात करून फायनलींत पावलो. भारत सर्तेंत आतां मेरेन अपराजित उरला. पांचवे ते 8वे सुवाते खातीर जाल्ल्या मॅचींत कझाकस्तानान चीनी ताइपेचेर 6-4 अशी मात केली.

-------------------------------------------

टेनिस

अमेरिका उक्त्या टेनिस बायलांच्या एकोंड्या सर्तींत, अमांडा अनि-सिमोवाक सरळ सेटांनी हरोवन, संवसारीक क्रमांक एकची आरीना साबालेंका हिणें, आपलो खिताब यशस्वीपणान राखून दवरला. डिफेंडिंग चॅम्पियन साबालेंकान काल रातीं अनि-सिमोवा हिचेर 6-3, 7-6 अशी मात केली. ह्या जैताक लागून साबालेंकान, चवथें ग्रॅण्ड स्लॅम मेळयलें. दादल्यांच्या एकोंड्या सर्तींत इटलीचो जॅनिक सिनर, कॅनडाचो फेलिक्स ऑगर-अलि-सिमेचेर चार सेटांनी जैत मेळोवन, फायनलींत पावलो. आज रातीं, स्पेनाचो कार्लोस आल्काराझ हाचे कडेन, ताचो फायनलींत सामनो जातलो.

-------------------------------------------

हवामान

अस्तंत राजस्थान आनी गुजरातात, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन भारतीय हवामान खात्यान आयज रेड अलर्ट जारी केला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण उदेंत राजस्थान, कोंकण, गोंय आनी मध्य महाराष्ट्रांतल्या एकसुरे सुवातींनी आयज, व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा

हांगाच्या एकसुरे सुवातेर पावस पडटलो. मजगतीं, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश आनी दक्षिण कर्नाटकांतल्या एकसुऱ्या सुवातींनी खर वारें व्हावपाची शक्यताय आसा, अशें आयएमडीन सांगलां.

-------------------------------------------

**आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो**

- **प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे कडेन, युक्रेनांतले संघर्श बेगीन सोंपवपाचे यत्न करपाविशी चर्चा केली.**
- **नव्यान लागू केल्ल्या जीएसटी दर आनी स्लॅबाचो, शेतकी क्षेत्राचेर व्हड परिणाम जातलो, अशें केंद्रीय कृशी आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां.**
- **आशिया कप दादल्यांच्या हॉकी सर्तीच्या फायनलींत आयज भारत, दक्षिण कोरिया आड खेळतलो.**
- **अमेरिका उक्त्या टेनिस सर्तींत, अमांडा अनि-सिमोवाक हरोवन, आरीना साबालेंका हिणें, आपलो खिताब यशस्वीपणान राखलो.**
- **राजस्थान आनी गुजरातात, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन भारतीय हवामान खात्यान आयज रेड अलर्ट जारी केला.**

-------------------------------------------